गोंय लोक सेवा आयोग

ईडीसी हावस, ब्लॉक 'सी',1लो मजलो, दादा वैद्य रोड, पणजी, गोंय – 403001.

संकेतथळः http://gpsc.goa.gov.in

**जायरात क्रमांक . 6 वर्स 2024**

**14/06/2024 दिसा प्रकाशीत**

सकयल दिल्ल्या पदां खातीर ऑनलायन अर्ज मागयतात.

**सगळ्या पदां खातीर अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 28-06- 2024 आसा.**

**ऑनलायन अर्ज करपा खातीर आयोगाचे संकेतथळ https://gpsc.goa.in वा गोंय सरकारचे पोर्टल https://cbes.goa.gov.in. चेर पळोवचें.**

ऑनलायन अर्ज भरचे पयलीं, उमेदवारांनी आयोगाच्या संकेतथळार उपलब्ध आशिल्ल्यो "सुचोवण्यो" जतनायेन वाचच्यो.

2. वेवसायीक महाविद्यालयां, भलायकी सेवा संचालनालयांत सल्लागार आनी वरिश्ठ तंत्रिकी विज्ञानीक पदां खातीर, कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, हेर तरेन योग्य आशिल्ल्या उमेदवारांची शिफारस गोंय लोक सेवा आयोग करूंक शकता आनी ही अट सदळ करप गरजेचें वा ताकतिकेचें अशें सरकाराचें मत आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारसीचेर सरकार ही अट सदळ करूंक शकता.

3. विहीत शिक्षणीक पात्रताय ही फकत किमान पात्रताय आसा आनी फकत ही पात्रताय आसली म्हूण उमेदवार मुलाखतीक आपोवपाक पात्र आसतलेच अशें ना. अर्जांची संख्या चड आसल्यार, "सुचोवण्यांत" नमूद केल्ल्या प्रमाणें आयोग मुलाखतीक आपोवंक उमेदवारांची लघू वळेरी तयार करतले.

टीप:1) एकदां अर्ज योग्य रितीन भरल्या उपरांत, उमेदवारांनी सकयल दिल्ल्या प्रमाणें, अर्ज शुल्क भरचें पडटले.

**ए) ऑनलायन**

- ऑनलायन फारीकणी करची.
- यशस्वी स्थिती दाखोवपी ई- पावती डावनलोड करची.

बी) ऑफलायन

- ई- चलन जनरेट करचें.
- गोंयांत आशिल्ल्या खंयच्याय एसबीआय शाखेंत फकत निमण्या तारखेक वा ताचें आदीं रोख फारीकणी करची (ई- चलनाची वैधताय जरी ई-चलन जनरेट जाले उपरांत सात दिस आसली तरी)
- ह्या ई- चलनाचेर बँकेचो स्टॅम्प गरजेचो आसा.
- अर्ज सादर करपाच्या निमण्या तारखेक वा ताचें आदीं आयोगाच्या कार्यालयांत स्टॅम्प मारिल्लें ई- चलन सादर करूंक जाय.

2) फारीकणी यशस्वी जाले उपरांतच उमेदवारांक आपलो अर्ज डावलोड करूंक मेळटलो.

3) निमाणें तारखे उपरांत शुल्क फारीक केल्लें अर्ज रोखडेंच न्हयकारतलें आनी ह्या फारीकणीचो परतावो दिवचे नांत.

4) अर्जात उमेदवाराचे ईमेल पत्तो आनी मोबायल क्रमांक चूकनासतना दिवपाक जाय. आयोग उमेदवारांच्या अर्ज संबंदीत सगळे संपर्क ईमेल पत्त्याचेर/मोबायल क्रमांकातल्यान धाडटलें. सगळ्या उमेदवारांक तांच्या अर्जा संबंदीत अद्यावत/ कळोवण्यां खातीर तांचे ईमेल/खातें/ मोबायल फोन/आयोगाचें संकेतथळ नेमान तपासपाचो सल्लो दितात.

टिप: जायरातीच्या अणकारीत आवृत्तीत इंग्लीश आवृत्ती परस खंयच्योय विसंगती दिसल्यो जाल्यार त्यो प्रामाणीत मानतलें.

## I. भौशीक भलायकी खातें

ए). गोंय वैजकीय म्हाविद्यालय

आपात्कालीन वखदांत सहाय्यक प्राध्यापक (Assistant Professor in Emergency Medicine) …...15 पदां (2- अनुसुचीत जमाती खातीर, 4- हेर मागास वर्गीयां खातीर, 1-अर्थीक दृश्ट्या दुबळया समाजा खातीर, 8- अन-आरक्षीत) (3रे फावटी)

वेतन श्रेणी: रू.15,600-39,100+6,600/-(पूर्व-सुदारीत)(सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें)

पिराय- 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

**आवश्यक:** (i) भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 (1956 चो कायदो क्र. 102) चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकीय पात्रताय. तिसऱ्या परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 (1956 चो कायदो क्र. 102) च्या कलम 13 पोट- कलम (3) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय. (ii) राष्ट्रीय वैजकीय आयोग (आदलें भारतीय वैजकीय मंडळ) मान्यताय प्राप्त वैजकीय महाविद्यालय / संस्थे कडल्यान संबंदीत खासा विशेशतायेंत पदव्युत्तर पदवी वा तत्सम. (iii) आवश्यक पदव्युत्तर पदवी मेळयल्या उपरांत खासा- विशेशतायेच्या विशयांत व्याख्यातो म्हूण उण्यांत उणो तीन वर्सांचो अणभव वा वैजकीय महाविद्यालय/शिक्षणीक संस्थेंत समतुल्य शिक्षणीक पद आसूंक जाय.

(iv)कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक :**–मराठीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**बी) भलायकी सेवा संचालनालय**

**वरिश्ठ मानसोपचारतज्ञ** ........1 पद ( अन-आरक्षीत )

**वेतन श्रेणी:** रू. 15,600 – 39,100 + 6,600(पूर्व-सुदारीत)(सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें) **पिराय-** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (i) भारतीय वैजकीय कायदो, 1956चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकीय पात्रताय. तिसऱ्या परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकीय मंडळ कायदो, 1956 च्या कलम 13 पोट कलम (3)त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय. (ii) पदव्युत्तर पदवी नासल्यार, त्या क्षेत्रांतली विशेश पदविका. (iii) पदविका धारकाक, पदव्युत्तर पदविका मेळयल्या उपरांत संबंदीत विशेशतायेंत जापसालदारकेच्या पदाचेर 3 वर्सां काम केल्ल्याचो अणभव. (iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक :**–मराठीचें गिन्यान आसूंक जाय.

## II. तंत्रीक शिक्षण संचालनालय

### गोंय वास्तूशिल्पशास्त्र महाविद्यालय

1. वास्तूशिल्पशास्त्रांत सहयोगी प्राध्यापक (Associate professor in Architecture) ...... 2पदां (1 पद अन-आरक्षीत, 1 पद हेर मागास वर्गीया खातीर आरक्षीत)(1 – दुसरे फावटी अन- आरक्षीत, 1- हेर मागास वर्गीय पद 4थे फावटी)

**वेतन श्रेणी** : वेतन मॅट्रीक्स टप्पो 13AI प्रमाणें (रू. 37,400–67,000+ ग्रेड पे 9,000/- पूर्व सुदारीत) **पिरायः** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (i) वास्तूशास्त्र विशयांत बॅचलर्स आनी मास्टर्साची प्रथम श्रेणीची वा तत्सम पदवी, एक तर बॅचलर्स वा मास्टर पदवी. (ii) योग्य त्या श्रेत्रांत पीएच.डी वा तत्सम. (iii) शिकोवप / संशोधन / वेवसायांत उण्यांत उणो 5 वर्सांचो अणभव आसूंक जाय.

**टीपः** वास्तूशास्त्र संबंदीत, वास्तूशास्त्र मंडळान प्रमाणीत केल्लो 5 वर्सांचो वेवसायीक अणभव वैध धरतले. (iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक:** (i)पीएच.डी उपरांत प्रकाशनां आनी पीएच.डी च्या विद्यार्थ्यांक मार्गदर्शन केल्लें आसूंक जाय. (ii) शिकोवप / संशोधन / वेवसायांत पीएच.डी उपरांत उण्यांत उणो 2 वर्सांचो अणभव आसूंक जाय. (iii) मराठीचें गिन्यान आसूंक जाय.

## III. उच्च शिक्षण संचालनालय

### सरकारी महाविद्यालय

**संगणक शास्त्रांत सहाय्यक प्राध्यापक (Assistant Professor in Computer Science)**

**..... 1 पद (हेर मागास वर्गियां खातीर आरक्षीत) (6वे फावटी)**

**वेतन श्रेणी:** रू.15,600-39,100+6,000/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें)

**पिराय** : 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

आवश्यक: (i) पदव्युत्तर पदवी पांवड्यार बऱ्या शिक्षणीक वावरा सयत संबंदीत विशयांत 55%* गूण वा तत्सम श्रेणींत भारतीय विद्यापिठांतल्यान वा विदेशी विद्यापिठांतल्यान तत्सम पदवी. (ii) सहाय्यक प्राध्यापकाचे नेमणुकी खातीर राष्ट्रीय पात्रताय परिक्षा (NET)/ राज्य स्तरीय पात्रताय परिक्षा (SET) सक्तीची आसतली: तशेंच, विद्यापीठ अनुदान आयोग नियमन 2009 चे मान्यतायेन (पीएच.डी पदवी मेळोवपा खातीर किमान प्रमाणन आनी प्रक्रिया) पीएच.डी पदवी प्रदान केल्ल्या उमेदवारांक, महाविद्यालयांत तत्सम स्थान वा सहाय्यक प्राध्यापकाची नेमणूक आनी भरती खातीर NET/ SET ची किमान पात्रताय अटीचे आवयश्यकतायेची सूट दितले. (iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिकः (i) संबंदीत विशयांत पीएच.डी वा ऍम.फील (ii) मराठीचें गिन्यान आसूंक जाय.

*पात्रतायेच्या उद्देशान आनी अध्ययन पदाचेर थेट भरती वेळार बऱ्या शिक्षणीक वावराचे मुल्यांकन करूंक अनुसुचीत जाती (SC) / अनुसुचीत जमाती (ST) / हेर मागास वर्गीय (OBC) / दिव्यांग वर्गींयां खातीर पदवीधर आनी पदव्युत्तर पांवड्यार 5 % सूट दिवंक शकता.

## IV. तंत्रीक शिक्षण संचालनालय

### गोंय कला महाविद्यालय

फायन आर्टांत सहाय्यक प्राध्यापक (Assistant Professor in Fine Art) (अप्लायड आर्ट)

… 1 पद (अन-आरक्षीत) (2रे फावटी)

वेतन श्रेणीः वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें (15,600-39,100 + ग्रेड पे 6,000/- पुर्व सुदारीत)

पिराय: 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः

आवश्यक – (i) संबंदीत शाखेत पयलें श्रेणी सयत बॅचलर्स आनी मास्टर्स पदवी वा दोनूय पदवींतल्या खंयच्याय एका पदवींत तत्सम पदवी आनी उण्यांत उणो दोन वर्साचो संबंदीत प्रोफेशनलांत अणभव आसूंक जाय. (ii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिक – मराठीचें गिन्यान.

## V. कृषी संचालनालय

**सहाय्यक कृषी अधिकारी (Assistant Agriculture Officer) ..... 1 पद (हेर मागास वर्गीयां खातीर आरक्षीत)**

**वेतन श्रेणीः** रू. 9,300-34,800+4,200/- (पूर्व सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 6 प्रमाणें) **पिरायः** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः-**

**आवश्यक-** (i) भारतीय कृषी संशोधन मंडळाच्या मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान कृषी/ फलोत्पादन विशयांत पदवी. (ii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक:** –(i) कृषी / फलोत्पादनांत तीन वर्सांचो अणभव. (ii) संगणक एप्लिकेशनाचें गिन्यांन आसूंक जाय. (iii) मराठीचें गिन्यान.

## VI. उद्देग, वेपार आनी वाणिज्य संचालनालय

**नियोजन अधिकारी (Planning Officer) …. 1पद (अन-आरक्षीत) (10 वे फावटी)**

**वेतन श्रेणी:** रू .9,300-34,800+4,600/-(पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 7 प्रमाणें)

**पिराय-** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय**

**आवश्यक** – (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान अर्थशास्त्र विशयांत पदव्युत्तर पदवी (ii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक** – (i) वेवसाय वेवस्थापन विशयांत पदव्युत्तर पदवी (ii) मराठीचें गिन्यान आसूंक जाय.